**<u>प्रजासत्ताक दीस सुवाळो</u>**

ता. 25 जानेवारी 2022

कांपालार बालभवना सामकारच्या परेड मैदानाचेर फाल्या 26 जानेवारी 2022 दिसा सकाळी 8.45 वरांचेर जावपी राज्य पावंड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दितले आनी जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

सुवाळ्याच्या थळार राज्यपालांक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुखेल सचीव श्री. परिमल राय, पुलीस म्हासंचालक डॉ. इंद्रदेव शुक्ला, गोंय विभागाचे ध्वजाधिकारी येवकार दितले.

प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याक मंत्री, खासदार, विरोधी पक्ष फुडारी, आमदांर, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, एडव्होकेट जनरल आनी हेर मानेस्त उपस्थित रावतले.

तशेंच राज्यांत जिल्हा आनी तालुका पांवड्याचेरय प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याचे आयोजन जातले. मडगांवा जिल्हा पावंड्यावयल्या कार्यक्रमात जिल्हाधिकाऱ्या हस्तुकीं राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले. तालुका पांवड्याचेर फोंडे, म्हापशें, वास्को, सांगे, काणकोण, पेडणे, केपे, दिवचल, धारबांदोडा, वाळपय हांगा जावपी प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात अतिरिक्त जिल्हाधिकारी/उपजिल्हाधिकारी राष्ट्रीय तिरंगो हुबयतले.

कोवीड-19 म्हामारीक लागून सगळीं कडेन सोशल डिस्टन्सिंग, मास्क, सॅनिटायजेशन शिश्टाचाराक पाळो दिवन सुवाळ्याचे आयोजन जातले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/73

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji